RAJASHRI KAMAT REGIONAL NEWS

09.02.2026 @ 7.20 PM

Gen z आनी gen alpha पिळगेतल्या विद्यार्थ्यांक शिकोवपाक सगळ्या शिक्षकांनी तंत्रगिन्यानाच्या नदरेन तयार जावंचे पडटले अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी मागला

दक्षिण जिल्यात आणि कुशावती जिल्ह्यांत नाईट क्लब आनी पर्यटन थळांनी बंद सुवातींनी फोग लावंक जिल्लोधिकाऱ्यानी बंदी घाल्या.

ग्लोबल कोंकणी फोरम ही संस्थन आपल्या पयलया वर्धापनदिसा निमतान १२ फेब्रुवारीक रोमी कोंकणी अानी गोंयाखातीर काम करपी स मानेस्ताक ह्या फोरमान पुरस्कार जाहीर केल्यात.

रांची हांगा जाल्या सिनियर बायला एका दिसाच्या क्रिकेट सरतिच्या एलिट गटात गोयच्या पगडान हैद्रबादाक ५१ धावडयानी हारायले

रश्मी/सुभाष 160

Gen z आनी gen alpha पिळगेतल्या विद्यार्थ्यांक शिकोवपाक सगळ्या शिक्षकांनी तंत्रगिन्यानाच्या नदरेन तयार जावंचे पडटले अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी मागला. ते आयज गोवा शालांत मंडळाच्या भांगरा उत्सवी वर्सा निमतान परवरे मंडळाच्या वास्तूत खासा कार्यावळीचे मुखेल सोयरे म्हूण उलयताले. गोवा शालांत मंडळाची वास्तू फुडल्या पिळग्यांक प्रेरणादायी थारू अशें तांणी मागले. गोवा शालांत मंडळान सगळ्या सोई सुविधांचो लाव राज्यातल्या विद्यार्थ्यांक दिवंचो अशेय तांणी सुचयलें.

आयज सकाळी जाल्ल्या ह्या कार्यावळींत , ज्ञान व्दार , गुरुकुल , रत्न संकलन , लोक पथ , विज्ञान आनी कला प्रदर्शन , परख केंद्र , प्रज्ञा पथ अशा वेगवेगळ्या

सुवांतींचे मुखेलमंत्र्यांच्या हस्तुकी उक्तावण जाले. तांणी गोंय मंडळाच्या घटमूट शिक्षणीक दर्ज्याचेर भर दिलो आनी प्रस्नपत्रिकांची चौकट तयार करपाक उंचेलो मापदंड थारायतले अशें सांगलें. विकसीत भारत 2047 च्या दृश्टीकोना प्रमाण शाळा मुळावी बांदावळ आनी विद्यार्थ्यांक फुडाराक तयार करपाचे यत्न सुरू आसात अशें मुख्यमंत्र्यांन सांगलें.

पर्यटनमंत्री रोहन खवंटे , आमदार कृष्णा साळकर , शिक्षण संचालक शैलेश झिंगडे , गोवा शालांत मंडळाचे अध्यक्ष भगीरथ शेटये माचयेर हाजीर आशिल्ले. सचिव विद्यादत्त नाईक हांणी उपकार मानले

शांत 150

दक्षिण जिल्यात आणि कुशावती जिल्ह्यांत नाईट क्लब आनी पर्यटन थळांनी बंद सुवातींनी फोग लावंक जिल्लोधिकाऱ्यानी बंदी घाल्या.ह्या जिल्ह्याच्यो प्रभारी जिल्होधिकारी एग्ना क्लिटस हांणी आयज हो आदेश जारी केलो. नाईट क्लब, बार आनी रेस्टॉरंट, हॉटेल, गेस्ट हावस, रिसॉर्ट, शेक्स, तशेंच इव्हेंट स्थळांनी बंद सुवातानी फोग लाव्पाचेर बंदी घाल्या अशें म्हळा. पूण ही बंदी देवळां, इगर्जी, मशिदी, गुरुद्वारा आनी हेर धर्मीक थळांक लागू जावची ना अशें या आदेशात म्हळा.

हाचे भायर कोणाक असो फोग वापरपाचे आसल्यार ताचे खातीर जिल्लोधिकारी वा सबंधीत अधिकाऱ्या कडल्यान परवानगी घेवची पडटली आनी उजो पालोवपाची सारक्यो आसल्यारच तांकां परवानगी दितले अशें आदेशांत म्हणलां. ह्या आदेशाचें उल्लंघन केल्यार भारतीय नागरी सुरक्षा संहितेच्या कलम 163 खाला गुन्यांवकारी खटलो नोंद जातलो अशें ह्या आदेशांत म्हणलां. हो आदेश 9 फेब्रुवारी 2026 सावन लागू जाला आनी तो पयली फाटी घेतलो ना जाल्यार 60 दीस मेरेन लागू

उरतलो. उपजिल्हाधिकारी, संबंदीत पुलीस यंत्रणा ह्या बंदी आदेशाची कडकपणान अंमलबजावणी करतली आनी आदेश मोडप्याआड कडक कारवाय जातली.

Dip 150

शिक्षण मंत्रालयाच्या शालेय शिक्षण आणि साक्षरता खात्याकडचान "राष्ट्रीय साधन-गुणवत्ता शिष्यवृत्ती योजना ही केंद्रीय क्षेत्रातली  योजना राबयतात. ही योजना आर्थिकदृष्ट्या दुर्बल घटकातल्या गुणवंत विद्यार्थ्यांक  आठवी यत्तेतले शिक्षण सोडपापासून रोखपाक  आणि माध्यमिक स्तरार शिक्षण सुरू दवरपाक  शिष्यवृत्ती प्रदान करपाक  राबयतात . या योजनेअंतर्गत, नववीच्या प्रत्येक पात्र विद्यार्थ्याक दरवरसा १२,०००/- रुपये शिष्यवृत्ती दितात  जी निर्धारित अटींच्या पूर्ततेप्रमाण बारावीमरेन  चालू उरू शकता  गोयक  उपलब्ध असलेल्या शिष्यवृत्तींची एकूण संख्या १४४ आसां.ही परीक्षा फक्त २०२५-२६ या शैक्षणिक वर्षात आठवीयत्तेत शिकपी सरकारी, सरकारी अनुदानित आणि स्थानिक स्वराज्य संस्थांच्या शाळांमधल्या विद्यार्थ्यां खातीर आसा  पुन  ज्या विद्यार्थ्यांच्या पालकांचे सगळया स्रोतांमधल्यान एकूण वर्सुकी  उत्पन्न ३.५ लाख रुपयांपर्स चड ना  आणि ज्यांनी इयत्ता सातवीच्या परीक्षेत किमान ५५ टक्के गुण वा समकक्ष ग्रेड मेळयला   हातुत अनुसूचित जाती/जमातीक  ५ टक्के सवलत आसा  तेच १ मार्च २०२६ क  गोवा राज्य शैक्षणिक संशोधन आणि प्रशिक्षण मंडळ आल्त पर्वरी वरवी आयोजित जाव्पी  राष्ट्रीय साधन-तथा गुणवत्ता शिष्यवृत्ती योजना परीक्षा २०२५-२६ त बसपाक पात्र आसात. निमणी तारीख १४ फेब्रुवारी आसा

सुशांत 120

ग्लोबल कोंकणी फोरम ही संस्था आपलो  पयलो वर्धापनदिन १२ फेब्रुवारीक मनोवपाचे आसा. ह्या निमतान रोमी कोंकणी अानी गोंयाखातीर काम करपी स मानेस्ताक ह्या फोरमान पुरस्कार जाहीर केल्यात.ह्या फोरमाचो साहित्य पुरस्कार कोंकणी लेखक

मान्यूएल फर्नांडिस हांकां जाहीर जाला. आंतरराश्ट्रीय पावंड्यावयलो सांस्कृतिक पुरस्कार युके देशात कोंकणी उलय लंडन फुलय हो रेडिओ चॅनल चलोवपी रॉक वाझ आनी बिहुला वाझ हांकां घोशीत केला. जाल्यार राश्ट्रीय पावंड्यावयलो सांस्कृतीक पुरस्कार गोंयचे फेस्तकार म्हूण फामाद आशिल्ले मावरीश फर्नांडिस हांकां जाहीर केला. कोंकणी सेवा पुरस्कार नातिविदाद डिसा हांकां जाल्यार तरणाटो पुरस्कार जोसुआ परेरा हांकां जाहीर केला.

हे पुरस्कार १२ फेब्रुवारीक मडगाव रवींद्र भवनातल्या ब्लॅक बॉक्सात भेटयतले. ह्यावेळार मुखेल सोयरे म्हूण डॉ. सुशीला सावंत मेंडीस ह्यो हाजीर आसतल्यो तर मानाचे सोयरे म्हूण पिलारच्या फादर आग्नेल हायस्कूलचे मुख्याध्यापक फादर पियो फुर्तादो हे हाजीर रावतले.

महेश 50

आदिवासी उदरगत मंत्री रमेश तवडकार हांणी आयज आदिवासी खात्याच्या अधिकाऱ्यां वांगडा बसका घेतली.हे बसकेंत वेगवेगळ्या विशयांचेर चर्चा जाली, खास करून आदिवासी इमारती बांदप, आदिवासी खात्या खाला प्रकल्प आनी हेर विशयांचेर चर्चा जाली.प्रसार माध्यम प्रतिनिधीं कडेन उलयतना मंत्री रमेश तवडकार हाणी आदिवासी भवन बांधपाची प्रक्रिया वेगान हातात घेतले आणि जाईल ते रोखडेच पुराय करतले अशे सांगले \

DIP 70

मतदार वळेरी निरिक्षक १२ फेबृवारिक सकाळीं 10.30 वरांचेर उत्तर जिल्हाधिकारी कार्यालयाच्या कॉन्फरन्स होलात तिसरे भेटी वेळार सामान्य लोकां कडल्यान निवेदना आसल्यार, घेवपाक उपलब्ध आसतलो. भारतीय वेंचणूक आयोग नवी दिल्लीन संदीप जॅकीस , हांका गोंय राज्या खातीर मतदार वळेरी निरिक्षक म्हणून, 2026 खातीर चालू

आशिल्ल्या खाशेल्या सघन पुनरावलोकना SIR खातीर, नियुक्त केल्या. सर्वसामान्य लोकांक रोल निरिक्षकाक ताच्या कार्यालयांत चेंबर क्रमांक 102, दुसरो माळो, सचिवालय, पर्वरी, हांगा मेळूं येता वा लँडलायन क्रमांक2419411, 2419620 ह्या नंबराचेर संपर्क करूं येता.

DIP 45

जनगणनासंचालनालय,

आनी नियोजन, सांख्यिकी आनी मूल्यांकन संचालनालय, गोंय राज्य जनगणना नोडल विभागान जिल्हा आनी अतिरिक्त प्रभारी पांवड्या वयल्या जनगणना अधिकाऱ्यां खातीर दोन दिवसांचो प्रशिक्षण कार्यक्रम आयोचीत केल्लो. पर्वरी हांगा सचीवालयाच्या सेमिनार हॉलत आयोजीत प्रशिक्षण कार्यक्रमाचे उक्तावण मुख्य सचीव डॉ. व्ही. कांदवेलू, हांचे हस्तुकीं जालें.

DIP 50

फाल्या मंगळार गोंयभर राष्ट्रीय कृमी निर्मूलन दीस पाळतले . ह्या दिसा 1 ते 2 वर्सां पिरायेच्या सगळ्यां भुरग्यांक आल्बेन्डाजोल 200 मीलीग्राम आनी 2 ते 19 वर्सां पिरायेच्या सगळ्यां भुरग्यांक आल्बेन्डाजोल 400 मीलीग्राम ही दंतनाशक गुळी दितले. हो कार्यक्रम यशस्वी करपा खातीर सगळें पालक, शिक्षक आनी अंगणवाडी कर्मचाऱ्यांनी पुराय सहकार्य दिवपाची विनंती भलायकी सेवा संचालनालयाच्या राज्य कुटुंब कल्याण मंडळान केल्या.

15

रांची हांगा जाल्या सिनियर बायला एका दिसाच्या क्रिकेट सरतिच्या एलिट गटात गोयच्या पगडान हैद्रबादाक ५१ धावडयानी हारायले

वेदर 20

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजीत चडाण चड तापमान ३४.५ डिग्री सेल्सियस तर उन्यात उणे २०.6 डिग्री सेल्सियस नोंद  जाला.